Panaji National 7th November 2026 0840

दिल्ली आनी महाराष्ट्रासयत सात राज्यांनी मसुदो मतदार यादींतल्यान वगळिल्ल्या मतदारांक नांव समाविष्ट करपाखातीर वेंचणूक आयोगान आनीक एक संदी दिली.

केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी देशाची सेमीकंडक्टर आनी इलेक्ट्रॉनिक्स इकोसिस्टम घटमूट करपाखातीर सेमीकॉन इंडिया २.० वेब ॲप्लिकेशन पोर्टलाचें उद्घाटन केलें.

सणांच्या काळांत रेल्वे सुमार १८ हजार खासा रेल्वेगाड्यो चलयता.

CBSE न 2027 वर्साच्या धावी आनी बारावेच्या मंडळ परिक्षेचे वेळा पत्रक जाहीर केला.

ECI – 90
भारतीय वेंचणूक आयोगान दिल्ली, महाराष्ट्र, हरियाणा, आंध्र प्रदेश, झारखंड, तेलंगणा आनी नागालँड हया राज्यांच्या मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्यांक सध्या चालू आशिल्ल्या खासा सघन पुनरावलोकन (SIR) प्रक्रियेच्या वेळार मतदार यादींत आपलें नांव समाविष्ट करप शक्य जावंक ना, अशा मतदारांक आनीक एक संदी दिवपाचे निर्देश दिल्यात.
ज्या मतदारांक गणना फॉर्म जारी केल्ले, पूण अनुपस्थित, स्थलांतरित, मृत वा डुप्लीकेट नोंदणी अशा कारणांक लागून जांचीं नांवां मसुदा मतदार यादींत समाविष्ट जावंक शकलीं नात, अशा मतदारांक निमाण्या मतदार यादींत आपलीं नांवां समाविष्ट करून घेवपाची आनीक एक संद मेळटली अशें आयोगान सांगलां.
Shah – 130
केंद्रीय गृह मंत्री अमित शाह हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला देश नक्षलवादापासून मुक्त जाला. वेगवेगळ्या राज्यांच्या पोलिसांनी आनी निमलष्करी दलांनी मेळून पाच दशकां सावन सुरु आशिल्ल्या हया संकटाचो अंत केलो, अशें तांणी सांगलें. काल डेहराडून हांगा उत्तराखंड पोलिसांक 'प्रेसिडेंट्स कलर' प्रदान करपाच्या कार्यक्रमांत ते उलयताले. आनीक एक गंभीर समस्या म्हळ्यार

ड्रग्साचो धोको राष्ट्रा मुखार आसा अशें गृहमंत्र्यान नदरेक हाडलें. भारताक अमली पदार्थमुक्त करप हो देशाचो संकल्प आसा, अशें तांणी सांगलें. 2029 वर्साच्या अखेर मेरेन भारत पुरायपणान ड्रग्स मुक्त करपाचो आनी अमली पदार्थांच्या व्यापारात गुंतीळल्या व्यक्तींक बंदखणींत धाडपाचो निर्णय सरकारान घेतिल्ल्याचे तांणी सांगले. वेळार केंद्रीय गृह मंत्री अमित शाह हांणी President's Colour प्राप्त जाल्ल्याखातीर उत्तराखंड पोलिसांचें अभिनंदन केलें. उत्तराखंड पोलीस हा सर्वोच्च सन्मान प्राप्त करपी देशांतलो १६वो पोलीस दल जाला आसा, अशें तांणी सांगलें. Byte

Vaishnaw – 40

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल नवी दिल्लींत 'सेमीकॉन इंडिया' च्या दुसऱ्या टप्प्या खातीर वेब ॲप्लिकेशन पोर्टल सुरू केलें. फाटल्या धा वर्सांत देशांतल्या इलॅक्ट्रॉनिक्स उद्देगांत जें रुपांतर दिसून आयलां तें सरकार आनी उद्देग क्षेत्राच्या एकत्रित प्रयत्नांच्या यशाचे प्रतिबिंब अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

Railway – 90

दिवाळी आनी छट सणांच्या काळांत प्रवाशांच्या सोयीखातीर भारतीय रेल्वे सुमार १८ हजार खासा रेल्वेगाड्यो चलयता. रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्ली रेल्वे स्थानकाची पळोवणी केल्या उपरांत ही म्हायती दिली. तांणी सांगलें, फाटल्या वर्सा सणांच्या काळांत १२ हजारां परस चड विशेष रेल्वेगाड्यो चलयल्ल्यो. नवी दिल्ली रेल्वे स्थानकाचेर सामान्य दिसांनी दर दिसा पांच लाखां परस चड प्रवासी येतात, पूण सणांच्या काळांत हो आकडो वाडून सुमार आठ लाखां मेरेन पावता. प्रवाशांची गर्दी नियंत्रणांत दवरपाखातीर अतिरिक्त रेल्वेगाड्यो चलयतात आनी रेल्वे सुरक्षा दलाच्या जवानांची तैनाती लेगीत वाडयल्या, अशें तांणी सांगलें.

Grains – 70

केंद्र सरकारान सगळ्या राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या व्यापाऱ्यांक, घाऊक विक्रेत्यांक, व्हड किरकोळ विक्री कंपन्यांक आनी प्रक्रिया उद्योगांक साठोवन दवरिल्ल्या तांदूळ आनी भाताच्या साठ्याची म्हायती दिवपाचे निर्देश दिल्यात.

तांदूळ आनी भाताचो सांठो आशिल्ल्या सगल्या संस्थांनी दर शुक्रारा ही म्हायती 'अन्न सांठो पोर्टल'चेर सादर करची अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण

मंत्रालयान सांगलां. तशेंच दिल्ले म्हायती अचूक आनी अद्ययावत आसा हाचीय तांणी खात्री करची पडटली.

VP Ayodhya – 30

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज दीपोत्सव २०२६त वांटो घेवपाक अयोध्येक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार उपराष्ट्रपती श्री राम जन्मभूमी देवळांत दर्शन घेवन प्रार्थना करतले आनी अयोध्येंत प्रभू श्रीरामाच्या प्रतिकात्मक राज्याभिषेक सुवाळ्यांत वांटो घेतले.

CBSE – 40

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान 2027 वर्साच्या धावी आनी बारावेच्या मंडळ परिक्षेचे वेळा पत्रक जाहीर केला.फुडल्या वर्सा फेब्रुवारीच्या 16 तारखे सावन दोनूय वर्गांची परिक्षा सुरू जातली. अधिकृत वेळापत्रका प्रमाण धावेची परिक्षा 9 मार्चाक सोंपता आनी बारावेची परिक्षा 9 एप्रील मेरेन चालू उरतली.

Jitin – 80

वाणिज्य आनी उद्योग राज्यमंत्री जितीन प्रसाद हांणी हंगरीच्या तीन दिसांच्या भेटी वेळार थंचे फुडारी, सरकारी प्रतिनिधीं, उद्योग क्षेत्रांतल्या तज्ञां आनी शैक्षणिक संस्थांच्या प्रतिनिधीं वांगडा साबार उच्चस्तरीय बसका घेतल्यो. तांची ही भेट काल सोंपली. व्यापार, गुंतवणूक, तंत्रज्ञान, नवोन्मेष आनी औद्योगिक विकास ह्या क्षेत्रांनी भारत आनी हंगरी हांचे मदले सहकार्य वाडोवप हो ह्या भोंवडेचो मुख्य उद्देश आशिल्लो. प्रसाद हांणी हंगरीच्या नेशनल असेंबलीच्या उपाध्यक्षांची भेट घेतली. ह्या भेटीवेळार दोनूय देशांमदले संबंध घटमूट करप आनी भारत-हंगरी सहकार्य वाडोवपाच्या संदींविषयी चर्चा जाली.

SEBI – 100

भारतीय प्रतिभूती आनी विनिमय मंडळाचे (SEBI) प्रशासकीय आनी सिविल कार्यवाहींचो निपटारो करपा संबंधित नवे नेम २०२६ आज सावन लागू जातले. पात्र अर्जदारांखातीर सेटलमेंट अर्जाची प्रक्रिया सुलभ करप हो ह्या नेमांचो उद्देश आसा. सेबीन एका निवेदनांत सांगलें, ह्या नेमांची अधिसूचना ८ ऑक्टोबराक जारी केल्ली. ह्या नेमांखाला पात्र व्यक्ती प्रशासकीय आनी सिविल कार्यवाहींचो निपटारो

करपाखातीर अर्ज करू शकतले. अर्ज प्रक्रिया सुलभ करपाखातीर सेबीन आपल्या संकेतस्थळाचेर वारंवार विचारिल्ल्या प्रश्नांची (FAQ) यादी उपलब्ध करून दिल्या. तशेंच, सेटलमेंटच्या रकमेची गणना करपाखातीर ऑनलाइन सुविधा आनी अर्ज सादर करपाखातीर स्वतंत्र ऑनलाइन फॉर्मय जारी केला. अर्जदारांक मदत करपाखातीर सेबीन एक मदत कक्षय स्थापन केला.

USA – 60

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी स्टीफन मिलर हांची व्हाईट हाऊसाचे नवे चीफ ऑफ स्टाफ म्हणून नेमणूक केल्या. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांच्या स्थलांतर धोरणांची आखणी करपांत मिलर हे तांचे प्रमुख सहकारी आशिल्ले. अमेरिकेंतल्या मध्यावधी वेंचणुकेंत रिपब्लीकन पार्टीचे काँग्रेसीच्या दोनूय सभाघरांत भोवमत गेल्या उपरांत ही नेमणूक जाल्या. ह्या पदाचेर मिलर हे सूसी वाइल्स हांची जागा घेतले. सूसी वाइल्स हांणी आपल्या पदाचो राजीनामो दिला.

CBI – 80

केंद्रीय अन्वेषण विभागान (CBI) मुंबईस्थित फ्युचर रिटेल लिमिटेड कंपनी आड ९०४ कोटी रुपयांपरस चड रकमेच्या बँक फसवणूक प्रकरणांत गुन्याव नोंद केला आनी काल वेगवेगळ्या सुवातींचेर छापे मारले.भारतीय स्टेट बँकेन (SBI) केल्ल्या कागाळीच्या आदाराचेर कंपनी, तिचे प्रमोटरस, व्यवस्थापकीय संचालक, कार्यकारी संचालक, हमीदार आनी अज्ञात सरकारी कर्मचाऱ्यां आड हो गुन्याव नोंद केला.आरोपींनी आपसांत कट रचून कागाळदार बँकेकडल्यान तशेंच णव बँकांच्या समुहा कडल्यान खेळत्या भांडवलाखातीर कर्ज, मुदत कर्ज आनी Letter of Credit स्वरूपांत आर्थिक सुविधा घेतल्याचो आरोप आसा.

Cricket – 40

भारतीय वेगवान गोलंदाज मोहम्मद शमी हाणें कस लावपी क्रिकेटांतल्यान निवृत्तीची घोषणा केल्या. ह्या निर्णयाक लागून ताची १३ वर्सांची कस लावपी क्रिकेट कारकिर्द सोपली. पूण, तो मर्यादित षटकांच्या क्रिकेटांत भारताचें प्रतिनिधित्व करतलो.शमी हाणें काल सोशल मीडियाचेर पोस्ट करून आपलो निवृत्तीचो निर्णय जाहीर केलो.

IMD – 40

भारतीय हवामान खात्यानं (IMD) आज केरळचो दर्यादेगेवेलो भाग, माहे, तमिळनाडू, पुद्दुचेरी आनी कराईकलात मुसळधार पावसाचो अंदाज उक्तायला.
IMDन सांगलां, सोमार मेरेन आंध्र प्रदेशचो दर्यादेगेवेलो भाग, आनी लक्षद्वीपत गडगड आनी जोगला मारून, त वादळी वाऱ्यांची शक्यताय आसा.